Akashwani Panaji

19th August 2026

National news 8.40 am

* आदले राष्ट्रपती डॉ शंकर दयाल शर्मा हांकां आयज तांच्या जयंती निमतान लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हानी श्रद्धांजली दिल्या.

* वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-जपान भागीदारीचा रणनितीचा म्हत्वाचेर भर दिला आनी जपानी वेवसायांक भारतांत आपली गुंतवणूक आनी भागीदारी वाडोवपाचे आवाहन केला.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह तामिळनाडूच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आज सांजे चेन्नई पावले.

* नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (NTA) न आपल्या परीक्षा विभागाची पुनर्रचना केल्या आनी तातुंत ६०० तज्ज्ञांक काडुन नवीन तज्ज्ञांची नियुक्ती केल्या.

Aata puray khabro

Nta

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (NTA) न आपल्या परीक्षा विभागाची पुनर्रचना केल्या आनी तातुंत ६०० तज्ज्ञांक काडुन नवीन तज्ज्ञांची नियुक्ती केल्या. शिक्षण मंत्रालयान सोशल मीडिया वेल्या एका पोस्टात सांगले की, परीक्षांच्या प्रश्नपत्रिकांची छाननी प्रक्रिया अधिक घटमुट कर पाक NTA वरवी चार-स्तरीय तपासणी प्रणाली लागू करले. तसेच, आगामी दोन ते तीन सप्तकात NTA त २० ते २५ अधिकाऱ्यांची नव्यान नियुक्ती करतले. याशिवाय, NTA ची कार्यालयां नवीन सुवातेत व्हरतले आणि थंय CISF च्या पंगडाच्या मदतीन सुरक्षा व्यवस्था अधिक कडक करतले. केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशीच्या निर्देशाप्रमाण परीक्षा सुरळीतपणान जावपाक आवश्यक ती सगळी सुरक्षा आणि संबंधित मुळावी सुविधा उपलब्ध करून दिवपाचो निर्णय NTA न घेतला

birla

आदले राष्ट्रपती डॉ शंकर दयाल शर्मा हांकां आयज तांच्या जयंती निमतान लोकसभा सभापती  ओम बिर्ला हानी श्रद्धांजली दिल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत बिर्ला हाणी , आदले  राष्ट्रपती एक नामनेचे  शिक्षणतज्ञ, कायदेतज्ञ आनी कुशळ राजकारणी आशिल्ले  आनी शिक्षण, संस्कृताय आनी लोकशाय संस्था घटमूट करपाक तांणी म्हत्वाचें योगदान दिल्लें अशे  सांगले .

shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह तामिळनाडूच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आज सांजे चेन्नई पावलले. ते फाल्या चेन्नय कडच्या कोवलम हांगा जावपी दक्षिण भारतातल्या मुख्यमंत्र्यांच्या परिषदेक उपस्थित रावतले. या परिशदेत तामिळनाडू, केरळम, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा आणि पुद्दुचेरीचे मुख्यमंत्री उपस्थित रावतले

goyal

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-जपान भागीदारीचा रणनितीचा  म्हत्वाचेर भर दिला आनी जपानी वेवसायांक भारतांत आपली गुंतवणूक आनी भागीदारी वाडोवपाचे आवाहन केला. नवी दिल्लींत जपानी शिश्टमंडळाक मार्गदर्शन  करतना गोयल हानी  , भारत आनी जपान हांचे मदीं भारत-पॅसिफिकांत शांतताय, प्रगती आनी समृध्दी हांच्या आकांक्षांनी रुजल्ली भागीदारी आसा अशे तांणी सांगले . यमनाशी प्रांतांतल्यान शिश्टमंडळाची उपस्थिती भारताच्या राज्यांनी आनी प्रदेशांनी द्विपक्षीय भागीदारीची वाडती वचनबद्धताय  दाखयता अशें तांणी नदरेक हाडलें. भारत-जपान द्विपक्षीय वेपार 2025-26 वित्तीय वर्सा 27.5 अब्ज डॉलर मेरेन पावला, जाल्यार जपान आतां भारतांत प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूक करपाचो पांचवो व्हडलो स्त्रोत जाला अशें गोयल हानी  सांगलें. मुंबय-अहमदाबाद हाय-स्पीड रेल्वे प्रकल्प, दिल्ली, अहमदाबाद, बेंगळुरू आनी चेन्नय हांगा जपानी मदतीची मेट्रो प्रणाली आनी आठ राज्यांतल्या

11 जपानी उद्देगीक शारांचो उल्लेख करून  भारत-जपान भागीदारी स्पष्ट दिसता अशें तांणी  नदरेक हाडलें. byte

gas

देशभरांतल्या घरांक निवळ, सुरक्षीत आनी परवडपी नळांतल्यान रांदपाचो गॅस हाडपाचो हेतू आशिल्ल्या घरगुती पीएनजी जोडणींचो प्रसार करपा खातीर सरकारान एक येवजणेक मान्यताय दिल्या. ही येवजण फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जातली. कुटुंबांक आपल्या रांदचे कुडींत नळांतल्यान सैमीक वायूचो वापर बेगीन सुरू करपाक मेळचो हे खातीर सक्रिय पीएनजी जोडणींचो विस्तार वेगान करपा खातीर ही येवजण तयार केल्या अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां.  पायपड नेचरल गॅस लोकांक एलपीजी सिलिंडर आनी पारंपारीक रांदपाच्या इंधनाक सुरक्षीत, निवळ आनी सोयीचो पर्याय दिता .ही येवजण स म्हयन्यांच्या दोन पांवड्यानी चालीक लायतली. येवजणे खाला, घरगुती पीएनजी जोडणी खातीर देशांतल्यान तयार केल्ल्या, उण्या दराच्या गॅसाचो अतिरिक्त 200 मानक घन मीटर वाटप दितले.

brics

पर्यावरण संरक्षण आनी शाश्वत  उदरगतीचेर सहकार्य घटमूट करपाची वचनबद्धताय ब्रिक्स नॅशनान  सांगल्या. काल नवी दिल्लींत जाल्ले 12व्या ब्रिक्स पर्यावरण मंत्र्यांची बसका सोंपतकच  संयुक्त मंत्रालयीन विधानांत म्हणलां, ब्रिक्स राश्ट्रांनीय 2030 वर्साचो शाश्वत उदरगती खातीर, संयुक्त राष्ट्रांच्या हवामान बदला विशींच्या चौकटी कबलातीची आनी ताच्या पॅरिस कराराची पुराय आनी प्रभावी अंमलबजावणी मुखार व्हरपाची वचनबद्धताय परतून दाखयल्या. विकसनशील देशांक पर्यावरण आनी हवामान आव्हानांक प्रभावीपणान फुडो करपाक  मेळचें म्हूण विकसीत देशांतल्यान अर्थीक उपलब्धताय सयत आंतरराश्ट्रीय सहकार्य वाडोवप गरजेचें आसा अशें देशांनी भर दिलो.

**Military Review 70**

झुजाच्या विकसीत स्वरूपाक लागून सशस्त्र सैन्या खातीर उ तंत्रज्ञानाचें वेगान रुपांतर आनी एकत्रीकरण गरजेचें जालां अशें उपसेनाप्रमुख लेफ्टनंट जनरल राहुल आर. सिंग हाणी म्हणला.

झुजांत, खास करून 2020 सावन, वेगान आनी खोल परिवर्तन जालां. डिजिटल संचार, इलॅक्ट्रॉनीक झुज, सायबर ऑपरेशन्स आनी नेटवर्क-आनी क्लाऊड आदारीत परिस्थितीजन्य जागरूकताय हे आर्विल्ल्या लश्करी कारवायांचे म्हत्वाचे घटक म्हूण वयर आयल्यात अशें नवी दिल्लींत भारतीय लश्करी नियाळाक संबोधीत करतना ताणी सांगलें

Jharkhand

झारखंड सरकारान काल रातीं अनियमिततायेक लागून रद्द जाल्ल्या 44 भरती परिक्षांची वळेरी जाहीर केली, हया विशयाचेर विद्यार्थ्यांनी निशेध उक्तायला. आठ अधिसुचोवण्यो जारी करतना राज्य सरकारान सांगलें की रद्द केल्ल्या परिक्षांनी झारखंड भौशीक सेवा आयोग (जेपीएससी) आनी डेटा प्रोसेसिंग प्रायव्हेट लिमिटेड (टीडीपीएल) हांणी 2014 सावन केल्ल्या परिक्षांचो आस्पाव आसा.रद्द केल्ल्या हेर मुखेल परिक्षां मदीं वखदां निरिक्षक, सहाय्यक प्राध्यापक, उपसंग्रहकर्तें, दंत दोतोर, सहाय्यक अभियंते, नागरी न्यायाधीश, अतिरिक्त भौशीक अभियोजक चो आस्पाव जाता . जेपीएससी-जेएसएससींतल्या झारखंड कर्मचारी निवड आयोग अनियमितताये संबंदीत प्रकरणांची सुनावणी करपा खातीर फास्ट ट्रॅक कोर्ट स्थापन करपाची विनंती उच्च न्यायालयांत करतले अशें अधिसुचोवण्यांनी म्हणलां.

RRB

प्रादेशिक ग्रामीण बँकांनी 2025-26 वित्तीय वर्सा पतपुरवणेंत बरी वाड केल्या अशें अर्थ मंत्रालयान सांगलां. मंत्रालयान , भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या प्राधान्य क्षेत्र रिणां दिवपाच्या चौकटी खाला हया ग्रामीण बँकांनी वर्साच्या काळांत घटमूट उरल्या.

imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत आनी अस्तंत उत्तर प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, आनी उत्तराखंडात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्यान ईशान्य भारत, दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, बिहार, छत्तीसगड, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, केरळ, माहे, हिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम ह्या वाठारांनी मध्यम ते चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

sports

हॉकींत आयज नेदर्लंडसाच्या ॲम्स्टेलव्हीनांत जावपी एफआयएच दादल्यांच्या हॉकी विश्वकरंड सर्तींत भारतीय दादल्यांच्या पंगडाचो प्रतिस्पर्धी पाकिस्ताना कडेन सामनो जातलो

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* आदले राष्ट्रपती डॉ शंकर दयाल शर्मा हांकां आयज तांच्या जयंती निमतान लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हानी श्रद्धांजली दिल्या.

* वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-जपान भागीदारीचा रणनितीचा म्हत्वाचेर भर दिला आनी जपानी वेवसायांक भारतांत आपली गुंतवणूक आनी भागीदारी वाडोवपाचे आवाहन केला.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह तामिळनाडूच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आज सांजे चेन्नई पावलले.

* नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी (NTA) न आपल्या परीक्षा विभागाची पुनर्रचना केल्या आनी तातुंत ६०० तज्ज्ञांक काडुन नवीन तज्ज्ञांची नियुक्ती केल्या.